# नागरिकाचें सनद

## संक्षिप्त माहिती

- गोंय कर्मचारी निवड आयोग अधिनेम, 2019 (2019 चो गोंय अधिनेम 11), 09-08-2019 दिसा गोंयच्या विधानसभेन मंजूर केला आनी 10-09-2019 ह्या दिसा गोंयच्या राज्यपालांनी ताका मान्यताय दिल्या.
- गोंय कर्मचारी निवड आयोग अधिनेम, 2019 (2019 चे गोंय अधिनेम 11) सरकारी खात्यांत अधोश्रेणी सेवां / पदांचेर (गट "सी" पदांचेर) नेमणूके खातीर परिक्षा घेवप आनी उमेदवारांची निवड करपाच्या उद्देशान गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या स्थापनेची तजवीज करपा खातीर आनी गोंय कर्मचारी निवड आयोगान ती कार्यपद्दत, ताचीं कार्यां आनी ताचे कडेन संबंदीत गजाली गरजे प्रमाणें दिवच्यो.
- गोंय कर्मचारी निवड आयोग अधिनेम, 2019 च्या कलम 3(1) आनी 3(2) च्या तरतुदी प्रमाणें आयोगांत एक अध्यक्ष आनी दोन वांगडी आसतले.

## गोंय कर्मचारी निवड आयोगाचो आदेश

(1) आयोग परिक्षा घेतले आनी अधोश्रेणी सेवां/ पदांचे नियुक्ती खातीर उमेदवारांची निवड करतले.

(2) आयोग अशीं हेर कामां आनी कर्तव्यांचें पालन करतले जीं सरकार, अधिसुचोवणी वरवीं निर्दिश्ट करूंक शकतात.

(3) आयोग विभागीय परिक्षा घेतले आनी सरकार ताका धाडिल्ल्या हेर गजालींचेर सल्लो दितलो.

(4) अधोश्रेणी सेवां/ पदां कडेन संबंदीत खंयचोय कायदो आनी नेम, नियमन वा ताचे अंतर्गत तयार केल्ल्या पोट-नेमांत किदेंय आसपावीत आसलें तरी, आयोग अशा अधोश्रेणी सेवां/ पदांच्या नियुक्ती खातीर परिक्षा घेवपाक सक्षम प्राधिकारिणी आसतलो

(5) नोकर भरतीच्या पद्दतीं संबंदीत सगळया गजालींचेर, वा अधोश्रेणी सेवां/ पदां कडेन संबंदीत हेर खंयच्याय गजालींचेर, सरकारी खात्यांनी ताका धाडिल्ल्या खंयच्याय

गजालींचेर सल्लो दिवप हें आयोगाचें कर्तव्य आसतलें.

(6) पूण सरकार घडये, सादारणपणान वा खंयच्याय खाशेल्या वर्गांतल्या प्रकरणांनी वा खंयचेय खाशेले परिस्थितींत आयोगाचो सल्लो घेवपाची गरज ना अशा गजालींचें स्पश्टीकरण दिवपी आदेश काडूंक शकता.

(7) आयोग आनी सरकारी खात्यां मदीं खंयच्याय विशयाचेर मतभेद आसलो जाल्यार, संबंदीत सरकारी खातें असो प्रस्न सरकारा कडेन धाडटलो आनी ताचेर सरकाराचो निर्णय निमाणो आसतलो.

<u>नोकर भरती करपाची पद्दत</u>

नोकर भरती थेट पद्दतीन करतात..

<u>थेट नोकर भरती</u>

थेट नोकर भरती व्हडां प्रमाणांत परिक्षा /तपासणी वरवीं जाता जातूंत आयोगान थारायिल्ले प्रमाणें कुशळटाय चांचणी, शारिरीक सहनशक्ती चांचणी/लेखी परिक्षा/संगणक आदारीत चांचणी (सीबीटी)/ओएमआर हांचो आसपाव आसूं येता.

<u>परिक्षे वरवीं नोकर भरती</u>

आयोगा वरवीं व्हडा प्रमाणांत उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करपा खातीर स्पर्धात्मक परिक्षा घेतात. ह्या पयल्या टप्प्यांत लघू वळेरी तयार केल्ल्या उमेदवारांक गरजेच्या दस्तावेजाच्यो स्वता प्रमाणीत प्रती तांकां कळयिल्ल्या निर्धारीत तारखेक वा ताचे पयलीं आयोगाक सादर करपाक सांगतले. परिक्षेक बसपी उमेदवारांक मेळिल्ले गूण गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या संकेतथळार लेगीत उपलब्ध आसात.

## जायराती

सगळया पदांच्यो जायराती राज्यांतल्या सगळया कडेन प्रसारीत (इंग्लीश, मराठी आनी कोंकणी) खबरापत्रांनी प्रकाशीत करतात. तशेंच आयोगाच्या www.gssc.goa.gov.in ह्या संकेतथळार जायराती अपलोड करतात.

## ऑनलायन अर्ज करप

- आयोगान ऑनलायन अर्ज स्विकारपाची पद्दत सुरू केल्या. नोकर भरती खातीर अर्ज फकत ऑनलायन पद्दतीन मागयतात.
- ऑनलायन अर्ज भरपाच्यो सुचोवण्यो आयोगाच्या संकेतथळार होस्ट केल्यात.
- योग्य, पुरायपणान आनी सुचोवणे प्रमाणें भरूंक नाशिल्ले अर्ज न्हयकारपाक पात्र आसात आनी अशा न्हयकारपाची जापसालदारकी उमेदवारांचेर आसतली अशी सुचोवणी उमेदवारांक दिल्या. आयोग अशे तरेचे न्हयकारपाचे कसलेच दावे मानून घेवचें नात.
- इंटरनॅटाचेर चड ताण पडिल्यान वा संकेतस्थळ ठप्प जाल्ल्यान डिस्कनेक्शन/ संकेतथळाचेर लॉग ऑन करपाक अक्षम/अपेस अश्यो शक्यताय टाळपा खातीर उमेदवारांनी निमाण्या तारखे पयलीं ऑनलायन अर्ज भरचे आनी निमाण्या तारखे मेरेन रावचें न्हय असो सल्लो दितात.
- उमेदवारान एका परस चड पदां खातीर अर्ज केल्यार दरेक पदा खातीर वेगळो अर्ज सादर करचो.
- अर्जी फॉर्माचो प्रिंटआवट आयोगाक धाडचो न्हय.
- वयर दिल्ल्या कारणांक लागून वा जीएसएससीच्या नियंत्रणा भायर हेर खंयच्याय कारणांक लागून उमेदवारांक निमाण्या तारखे भितर आपलो अर्ज सादर करूंक मेळूंक ना जाल्यार कसलीच जबाबदारी जीएसएससी स्विकारचें नात

ऑनलायन फॉर्मा वांगडा अपलोड करपाचे दस्तावेज

- पासपोर्ट आकाराचो फोटो (स्कॅन केल्लो)
- सय (स्कॅन केल्ली)
- शिक्षणीक प्रमाणपत्रां (स्कॅन केल्ली)

शुल्क फारीकणी करपाक

अर्ज शुल्क फारिकणी फकत ई-पेमेंट पद्दतींत करतलें. अर्ज शुल्काचे ई-पेमेंट करपाच्यो वेगवेगळे प्रकार आनी तांचे शुल्क सकयल दिल्ले प्रमाणें आसात:

| ई-पेमेंट पद्दत | शुल्क |
|---|---|
| इंटरनॅट बँकींग | कांयच ना |
| डॅबीट कार्ड | कांयच ना |
| क्रॅडीट कार्ड | * बँकेन निर्दिश्ट केल्ले प्रमाणें दर |
| युपीआय | कांयच ना |

- अर्ज शुल्क भरल्या उपरांत, फॉर्म सादर करपाची प्रक्रिया पुराय जातली. ते उपरांत अर्जी फॉर्मांत कसलोच बदल/सुदारणा करपाक परवानगी दिवचें नात.
- वयर सांगिल्ल्या प्रमाणें निर्धारीत अर्ज फी शिवाय अर्ज, रोखडेच न्हयकारतले आनी न्हयकारपाच्या विरोधांत कसलोच पत्रवेव्हार/निवेदन विचारार्थ स्विकारचे नात.

वर्सुकी अहवाल

आयोगान केल्ले कामाची माहिती आशिल्लो वर्सुकी अहवाल.

वापरप्यांची जापसालदारकी

उण्यांत उण्या वेळांत निश्पक्ष, कार्यक्षम आनी निपक्षपाती प्रमाणें निवड करपाच्या ध्येयाक आयोग बांधील आसा. हो उद्देश साध्य करपा खातीर, उमेदवारांनी अर्जी फॉर्म भरपा संबंदी आयोगाच्या जायरातींत तशेंच आयोगाच्या https://gssc.goa.gov.in ह्या संकेतथळाचेर दिल्ल्या सुचोवण्यांचे बारीकसाणेन पालन करचे अशी आयोगाची अपेक्षा आसा.

## संकेतथळ

आयोगान आयोजीत केल्ल्यो वेगवेगळ्यो परिक्षा, जायराती, लेखी परिक्षेचो निकाल आनी हेरां विशींची माहिती आयोगाच्या https://gssc.goa.gov.in ह्या संकेतथळार उपलब्ध आसा.

## आरटीआय अधिनेम, 2005 अंतर्गत माहिती

आरटीआय अधिनेम, 2005 अंतर्गत भौशीक वांगड्याक माहिती दिवपा खातीर, आयोगान भौशीक माहिती अधिकारी (पीआयओ) आनी अपील प्राधिकारिणीची नेमणूक केल्या. तांचीं नांवां, पदनाम, दूरभास क्रमांक सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:-

**पयली अपील प्राधिकारिणी**
**अवर सचीव-I** दूरभास क्र. (0832) 2437260

**भौशीक माहिती अधिकारी**
**मुखेल कारकून** दूरभास क्र. (0832) 2437260

हें सगळें आयोगाच्या https://gssc.goa.gov.in ह्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आसा.